26th August 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांत, अहमदाबादच्या हंसलपूर हांगा हायब्रीड बॅटरी इलॅक्ट्रॉडच्या थळाव्या उत्पादनाचें उक्तावण करतले.

- केंद्र सरकारान सरदार पटेल आणि बिरसा मुंडा हांच्या १५०व्या जयंती तशेच अटल बिहारी वाजपेयी हांची जन्मशताब्दी मनोवपाक, तीन उच्चस्तरीय समिती स्थापन केल्यात.

- केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी, नवी दिल्लीत ५६ व्या आयआयटी कौन्सिल बसकेचे अध्यक्षस्थान भूषयले.

- काल अहमदाबादांत जाल्ल्या 2025 राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपांत, स्टार इंडियन वेटलिफ्टर मीराबाई चानू हांणी, भांगरा पदक जिखले.

- भारतीय हवामान खात्यान शेनवारा मेरेन गुजरातात आनी फाल्यां मेरेन राजस्थानात घोग्यांनी पावसाचो अदमास उक्तायला.

पीएम गुजरात - 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांतल्या अहमदाबादच्या हंसलपूर हांगा शंबर देशांक संकरीत बॅटरी इलॅक्ट्रॉड आनी फ्लॅग ऑफ बॅटरी इलेक्ट्रीक वाहन निर्यात करपाचें, थळाव्या उत्पादनाचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री 1 हजार 400 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे, जायते रेल्वे प्रकल्प, राष्ट्राक समर्पित करतले. विरामगाम-खुदाद-रामपुरा रस्त्याच्या रुंदीकरणाचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं जातलें. तशेंच अहमदाबाद-मेहसाना-पालनपूर रस्त्याचेर स लेन वाहनांचो अंडरपास, आनी अहमदाबाद-विराम-गम रस्त्याचेर रेल्वे ओव्हरब्रिज बांदपाच्या कामाचो, प्रधानमंत्री मोदी बुन्याद फातर घालतले. मजगती, काल पर्धामंत्री मोदी हांणी शेतकार, गोरवां पोसपी, आनी ल्हान उद्देजक हांचे हितसंबंद राष्ट्रा खातीर सगळ्यांत चड म्हत्वाचे आसात, हाचेर भर दिलो. अहमदाबादच्या खोदल-धाम मैदानाचेर 5,400 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण उपरांत प्रधानमंत्र्यांनी मेळाव्याक संबोधित केले.

भारत खंयच्याच दबावा खाला, ह्या गटांक कसलीच हानी जावंपाक दिवचो ना, अशेय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

वल्लभभाई पटेल समिति - 60

सरदार वल्लभभाई पटेल आणि आदिवासींचे आदर्श बिरसा मुंडा हांच्या १५०व्या जयंती तशेच अटल बिहारी वाजपेयी हांची जन्मशताब्दी मनोवपाक, सरकारान तीन उच्चस्तरीय समिती स्थापन केल्यात. केंद्रीय सांस्कृतिक मंत्रालयाच्या म्हणण्याप्रमाण, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे तिनूय समित्यांचे अध्यक्ष आसतले. देशभरातल्या स्मारक समारंभाच्यो योजना, कार्यक्रमांक मंजुरी दिवप, देखरेख करप आणि मार्गदर्शन करप, ही समितीची जबाबदारी आसा.

Dharmendra प्रधान - 60

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी, नवी दिल्लीत ५६व्या आयआयटी कौन्सिल बसकेचे अध्यक्षस्थान भूषयले. सोशल मीडिया पोस्टात, प्रधान हाणी म्हणले की, ह्या बसकेत ताणी शैक्षणिक प्रगतीचो आढावो घेतला आणि मुखावेल्या २५ वर्षां खातीर, आयआयटीचो रोडमॅप अधोरेखित केला. आयआयटी अधिक समावेशक, संशोधन-केंद्रित आणि २१व्या शेकड्याच्या गरजांकडे सुसंगत करपाच्या उद्देशान, ही बसका आयोजित केलली.

शाह - 130

संविधान (१३० वी दुरुस्ती) विधेयका आडच्या निदर्शनां खातीर, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी, विरोधी पक्षांचेर टीका केली. एका खबरा संस्थेक दिल्या मुलाखतीत, मंत्री शहा हाणी आरोप केला, की विरोधी पक्षांचे फुडारी कादयेत आसतानाय, सरकार स्थापन करपाचो आणि चलवपाचो यत्न करतात. तांणी विधेयकाविरुद्ध, विरोधी पक्षांनी केल्या निदर्शनांक अ-लोकतांत्रिक, अशे म्हणले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीच, या विधेयकाच्या आश्रयाखाला प्रधानमंत्री कार्यालय हाडपाचो आग्रो धरिल्लो, हाचेरमंत्री शहा हाणी उजवाड घालो. कायद्याचो हवालो दिवन, शाह हाणी म्हणले की, जर खंयच्याय वेचुन आयिल्या प्रतिनिधीक दोन वर्सा वा तेपरस अधिक काळ ख्यास्त जाली, तर ताका संसद सदस्य म्हणून ताच्या पदावेल्यान मुक्त करतले. आदले उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांच्या राजीनाम्याविशी विरोधकांनी प्रश्न उपस्थित केल्याबद्दल, शाह हाणी म्हणले, की धनखड हाणी तांच्या, वैयक्तिक भलायकेच्या समस्येखातीर राजीनामो दिला. विरोधकानी हो मुददो, चड ताणचो न्हय, अशेय ताणी सांगले.

APY - 50

अटल पेन्शन योजना (APY) न या महिन्याच्या २१ तारखे मेरेन ८.११ कोटी सदस्यां चो पावंडो हूपुन एक महत्त्वाचो पावंडो गाठला , जातुन २०२४-२५ या आर्थिक वर्सात १.१७ कोटींहून अधिक नवीन सदस्यांनी नोंदणी केल्या. देशातली बायला लोकसंख्या आणि तरणाट्या पिळगेमदी APY वेगान लोकप्रिय जाता. २०२४-२५ या आर्थिक वर्षात, एकूण नोंदणीपैकी ५५ टक्के बायला आशिल्ली.

रेल मंत्रालय - 140

रेल्वे मंत्रालय आणि NTPC हाणी, नोएडातल्या पॉवर मॅनेजमेंट इन्स्टिट्यूटात, फ्लाय एश 'वापर आणि येरादारी' या विषयार राष्ट्रीय परिषद आयोजित केली. मंत्रालयान अधोरेखित केले, की २०२४-२५ वर्सा भारतान ३४० दशलक्ष टनांपेक्षा चड फ्लाय ॲश तयार केली, तातूंतली ३३२.६३ दशलक्ष टन यशस्वीरित्या वापरली. निर्माण जाल्या एकूण फ्लाय ॲशपैकी ३२ टक्के, रस्ते आणि उड्डाणपुलांच्या बांधकामात वापरली, त्याउपरांत २७ टक्के सिमेंट उद्योगात आणि १४ टक्के विटो आणि टाइल्सच्या निर्मितीत वापरली. मंत्रालयान हाचेर भर दिला, की ते फक्त येरादारीचो एक पाचवो आणि शाश्वत मार्ग दिना, तर आकर्षक माल येरादारी सवलतींवरवी, एक किफायतशीर पर्याय लेगीन प्रदान करता. ही परिषद भागीदारी वाडोवपाच्या दिशेन, अंतर्दृष्टी सामायिक करपाच्या आणि देशभरात शाश्वत फ्लाय ॲश वापराक, एक व्यापक आराखडो तयार करपाच्या दिशेन, एक महत्त्वपूर्ण पाऊल आसा.

खडसे Sports - 60

युवा व्यवहार आणि खेळा राज्यमंत्री रक्षा निखिल खडसे हाणी, नवी दिल्लीत 'गिव्हिंग विंग्ज टू ड्रीम्स कॉन्क्लेव्ह २०२५' चे उक्तावण केले. ह्या परिषदेत उलयताना खडसे हिणे म्हणले की, जर खेळाडूंक सुरुवातीच्या काळात

खेळा विज्ञानाची ओळख करून दिली ना, तर तांची भांगरा वर्सां वगडावतात. खेळा क्षेत्राक सार्वजनिक-खाजगी भागीदारी मॉडेल स्वीकारपाचे आणि खाजगी खेळाडूंक, खेळांमदी गुंतवणूक करपाचे आवाहन तीणे केले.

मांडविया - 140

खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हाणी म्हणला की, भारत २०४७ मेरेन, जगातल्या पयल्या पाच खेळां राष्ट्रांमदी सुवात मेळोवपाची आस्त बाळगीता. अहमदाबादात जाल्या राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपच्या उक्तावण सुवाळ्यात उलयताना, मंत्री  मांडविया हाणी म्हणले की, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला भारतान, खेळा क्षेत्रात व्हड प्रगती केली आणि या क्षेत्रात खुपशो सुधारणा केल्यात. प्रधानमंत्रयांनी मुखावेल्या १० वर्सांत देशाक, जगातल्या पयल्या १० देशांमदी व्हरपाचे ध्येय दवरतला.

मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी नवी दिल्लीत, हॉकी दादले आशिया कप २०२५ ट्रॉफीचे अनावरण केले. स्पर्धेचो १२वो संस्करण या महिन्याच्या २९ तारखेपासून, फुडल्या महिन्याच्या, ७ तारखेमेरेन बिहारच्या राजगीर हांगा जातलो.

मिराबाई चानू  - 60

काल अहमदाबादांत जाल्ल्या 2025 राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपांत, स्टार इंडियन वेटलिफ्टर मीराबाई चानू हांणी, भांगरा पदक जिखले. टोकियो ऑलिंपिकांत रुप्या पदक जिखपी चानू हिणें वट्ट 193 किलो वजन उखलून स्नॅच, क्लीन आनी जर्क, आनी एकूण हया मळार, नवे राष्ट्रकुल चॅम्पियनशिप विक्रम केला. हया जैताक लागून तिका, ग्लासगो 2026 राष्ट्रकुल खेळां सर्ती खातीरय, थेट पात्रताय मेळ्ळी.

नेमबाजी - 90

कझाकस्तानातल्या श्यामकेंट हांगा जाल्या, आशियाई नेमबाजी सर्तीत भारतीय बायला नेमबाजांनी, २५ मीटर पिस्तूल ज्युनियर वैयक्तिक सर्तीत वर्चस्व गाजयत भांगरा, रुपया आणि कांस्यपदक जिंकले. पायल खत्रीने भांगरा, नाम्या कपूराने रुपया आणि तेजस्विनीन अंतिम फेरयेत, कांस्यपदक जिंकले. या तिघांनीय सांघिक सर्तीत, भांगरा पदक जिंकले.

बॅडमिंटन - 50

बॅडमिंटनांत भारताचो H.S. Prannoy आयज पॅरिसांत जावपी बीडब्ल्यूएफ वर्ल्ड चॅम्पियनशिपांत आपली मोहीम सुरू करपाचो आसा. लक्ष सेन बेगीन भायर सरल्या उपरांत, दादल्यांच्या एकोड्या सर्तींत देशाची आस्त Prannoy मुखार व्हरतलो. पयल्या फेरयेंत फिनलँडाच्या जोआकिम ओल्डॉर्फ हांचे कडेन ताचो सामनो जातलो. सेन भायर पडल्या उपरांत, पॅरिसांत भारताचें एकोडे आव्हान जिवें दवरपाखातीर, सगळ्याचे लक्ष प्राणोयचेर आसात.

हवामान - 80

भारतीय हवामान खात्यान शेनवारा मेरेन गुजरातात आनी फाल्यां मेरेन राजस्थानात घोग्यांनी पावसाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयएमडीन दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, पंजाब, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ओडिशा आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशात व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज छत्तीसगढ, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत मध्य प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण, गोंय, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, केरळ, माहे आनी तेलंगनाच्या एकसुरे

सुवातेर, पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडें बिहार, गुजरात, आंतरीक कर्नाटक, झारखंड, तेलंगणा, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा ह्या सुवातींनी वीज आनी वादळी वारें संयत गडगड मारपाची शक्यताय उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांत, अहमदाबादच्या हंसलपूर हांगा हायब्रीड बॅटरी इलॅक्ट्रॉडच्या थळाव्या उत्पादनाचें उक्तावण करतले.

- केंद्र सरकारान सरदार पटेल आणि  बिरसा मुंडा हांच्या १५०व्या जयंती तशेच अटल बिहारी वाजपेयी हांची जन्मशताब्दी मनोवपाक, तीन उच्चस्तरीय समिती स्थापन केल्यात.

- केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी, नवी दिल्लीत ५६ व्या आयआयटी कौन्सिल बसकेचे अध्यक्षस्थान भूषयले.

- काल अहमदाबादांत जाल्ल्या 2025 राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपांत, स्टार इंडियन वेटलिफ्टर मीराबाई चानू हांणी, भांगरा पदक जिखले.

- भारतीय हवामान खात्यान शेनवारा मेरेन गुजरातात आनी फाल्यां मेरेन राजस्थानात घोग्यांनी पावसाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.  नमस्कार